16th August 2026 8.40am

आकाशवाणी पणजी केंद्राच्या प्रादेशिक खबरा

मुखेल खबरो

**- संसद आनी राज्य विधानसभांनी बायलांचें आरक्षण, चालीक लावपाक सगल्या पक्षांनी आदार दिवचो, असो उलो प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी मारला.**

**- वेगवेगळ्या भौशीक परिक्षे खातीर फुकट ऑनलायन प्रशिक्षण दिवपाची, प्रधानमंत्र्यांनी केली घोशणा. फुडल्या एका वर्सात, एक कोटी तरणाट्यांक, एआय कुशळटायेचें प्रशिक्षण दिवपाचें सरकारान थारायलां.**

**- ५० देशांचो प्रवास पुराय करून, खाशेली अशी सूर्यपथ तिरंगा संवसारीक रिले, काल san francisco हांगा सोंपली.**

**- उपराष्ट्रपती सी.पी. राधाकृष्णन आयज सावन, तमिळनाडूच्या दोन दिसांच्या भोंवडेर आसतले. ह्या भेटी वेळार शिक्षणीक, यादस्तीक आनी साहित्यीक कार्यावळींत वाटेकर जातले.**

**- हॉकींत काल, नेदर्लंडसाच्या एम-स्टेलवीनांत जाल्ल्या, एफ.आय.एच हॉकी विश्वचषकांत गट डी मॅचींत, भारतान वेल्साक 3 आड 1 अशे हरयले.**

-----------------------------------------------------------

पीएम स्वातंत्र्य दीस

राष्ट्रान काल आपलो 80वो स्वातंत्र्यताय दीस मनयलो. ह्या निमतान प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी लाल किल्ल्यावेल्यान, तीरिंगो बावटो हुबोवन, जायत्यो म्हत्वाच्यो घोशणा केल्यो. राष्ट्राक मार्गदर्शन करतना प्रधानमंत्री मोदी हांणी, फाटल्या बारा वर्सांत देशांतल्या नागरिकांनी आपल्या निर्धारान आनी समर्पणान देशाक नव्या उंचायेर व्हरपाचे सगळे यत्न केल्यात, अशे तांणी सांगले. व्हड सपनां राष्ट्राचे यत्न आनी क्षमता वाडयतात, हाचेर तांणी भर दिलो.

विकसित भारताखातीर तरणाटे आनी बायलांक सशक्त करपाचेर भर दितना, प्रधानमंत्री मोदी हांणी गरीब आनी मध्यमवर्गीय कुटुंबांक वेगवेगळ्या भौशीक परिक्षे खातीर फुकट ऑनलायन प्रशिक्षण दिवपाची घोशणा केली. तशेंच फुडल्या एका वर्सा एक

कोटी तरणाट्यांक, एआय कुशळटायेचें प्रशिक्षण दिवपाचें सरकारान थारायलां, अशेंय प्रधानमंत्री मोदी हांणी जाहीर केलें.

----------------------------------------------------------

PM Women Reservation

संसद आनी राज्य विधानसभांनी बायलांचें आरक्षण, राजकी झगडीं करिनासतना चालीक लावपाक सगल्या पक्षांनी आदार दिवचो, असो उलो प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी मारला. बायलांक मान दिवपा खातीर मुखार सरचे आनी तांका विधानसभा आनी लोकसभेंत बेगीनांत बेगीन, 33 टक्के प्रतिनिधित्व मेळचें, हांचेर तांणी भर दिलो. भारताचे धोरण तयार करपाक, बायलांक योगदान दिवपाची संद दिवची, अशें प्रधानमंत्रीण मोदी हांणी मागलें.

----------------------------------------------------------

Tiranga Relay

उदेंतेक फिजी सावन अस्तंतेक अमेरिकेंमेरेन, 54 देशांनी प्रवास पुराय करून, काल खाशेली अशी सूर्यपथ तिरंगा ग्लोबल रिले सोंपली. हर घर तिरंगा मोहिमेक लागून सूर्यपथ तिरंगा उपक्रम मनयला, अशें विदेश वेव्हार मंत्रालयान सांगलें. फिजींतल्या भारताच्या उच्च आयोगा कडल्यान सुरू केल्ल्या ह्या रिलेंन, तिरंग्याची भावना, एका सुर्योदयांतल्यान दुसऱ्या सुर्योदयां मेरेन व्हरून, संवसारभरांतल्या भारतीय समाजाक आनी इश्टांक एकठांय हाडले.

----------------------------------------------------------

Vice President Tamil Nadu

उपराष्ट्रपती सी.पी. राधाकृष्णन आयज सावन, तमिळनाडूच्या दोन दिसांच्या भोंवडेर आसतले. ह्या भेटी वेळार तो चेन्नय, चेंगलपट्टू, तिरुवरूर, आनी तंजावूर हांगाच्या शिक्षणीक, यादस्तीक आनी साहित्यीक कार्यावळींत वाटेकर जातले. आयज उपराष्ट्रपती चेंगळपट्टू हांगाच्या एस.आर.एम इन्स्टिट्यूट ऑफ सायन्स अँड टेक्नॉलॉजीच्या 22व्या दीक्षांत सुवाळ्यात वाटेकर जातले. तशेंच नागालँड, मणिपूर आनी अस्तंत बंगालच्या आदल्या राज्यपालाच्या, पयल्या पुण्यतिथी सुवाळ्याक, उपराष्ट्रपती चेन्नयांत वांटो घेतले.

--------------------------------------------------------

Amit Shah Rajasthan

केंद्रीय सहकार मंत्री अमित शाह आयज, राजस्थानांतल्या आल्वारांतल्या अलवर सरस दुग्ध संकुलांत, नव्या दुग्ध कारखानाची बुन्याद घालतले. सहकार मंत्रालयान म्हायती दिली, की ह्या कार्यावळींत ई-बुन्याद घालतले आनी राजस्थानांतल्या 17 जिल्ह्यांनी 6 हजार 262 कोटी रुपयांच्या, वेगवेगळ्या उदरगतीच्या कामांचें ई-उदघाटन करतले. ते भायर रोजगर उत्सवा खाला, 10 हजार ५०० परस चड, नव्यान नेमिल्ल्या कर्मचाऱ्यांक नेमणूक पत्रां वितरित करतले.

--------------------------------------------------------

अटल बिहारी वाजपेयी

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी आदले प्रधानमंत्री अटल बिहारी वाजपेयी, हांका ताच्या पुण्यतिथी निमतान आर्ग ओपली. प्रधानमंत्री मोदी हांणी वाजपेयी हांच्या उल्लेखनीय दृश्टीकोन आनी राजकारणाची तोखणाय केली. लोकसभेचे अध्यक्ष ओम बिर्ला आणी केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाहा हाणी लेगीत, वाजपेयी हांकां ताच्या पुण्यतिथी दिसा, श्रद्धांजली ओपल्या.

--------------------------------------------------------

PM Sports

2036 वरसाचे ऑलंपिक खेळाखातीर, भारतांतल्या भुरग्यांच्या खेळां प्रतिभेचो सोद घेवपाक, पांच ते पंदरा वर्सा पिरायेच्या भुरग्यांखातीर वेगवेगळ्या शाळां, गांव आनी शारांनी प्रतिभा सोद मिशन घडोवन हाडटले, अशें प्रधानमंत्री मोदी हांणी सांगलें.

--------------------------------------------------------

एनटीए Results

राष्ट्रीय चांचणी एजन्सीन (एन.टी.ए) युजीसी-नेट जून 2026, CSIR-NET प्रवेशा खातीर, भारतीय शेतकी संशोधन मंडळ ICAR - अखिल भारतीय प्रवेश परिक्षा आनी पीएच.डी.ची अखिल भारतीय स्पर्धा परीक्षेची तात्पुरती उत्तरतालिका (provisional answer keys) आयज जाहीर करतली. उत्तरतालिका आपल्या संकेतथळार उजवाडायतले, अशें

एन.टी.एन सांगलां. तशेच उमेदवारांक फकत, एनटीएच्या अधिकृत माहितीचेरूच आदारून रावचे, असो  सल्लो दिला.

---

Delhi Pink Saheli Card

दिल्ली सरकारान दिल्ली येरादारी म्हामंडळाच्या बशींतल्या, बायलां प्रवाशां खातीर, गुलाबी तिकीट सुविधा, ह्या म्हयन्याचे 31 तारखे मेरेन वाडयल्या. येरादारी खात्याच्या आदेशांत म्हणलां, की फुकट बस प्रवासाक पात्र आशिल्ल्या बायलांक, डी.टी.सी आनी दिल्ली क्लस्टर बशींत कागदाची गुलाबी तिकेट वापरू येता. हाचे आदीं काल, ही सुविधा सोंपपाची आशिल्ली आनी आयज पिंक सहेली स्मार्ट कार्ड, सक्तीचें जावपाचें आशिल्लें. चड बायलांक स्मार्ट कार्ड मेळचें म्हणून, हि आदीची तिकीट पद्दत दवरपाचो निर्णय, सरकारान घेतलो. आतां मेरेन दिल्लीत सुमार 18 लाख पिंक सहेली कार्डां वांटून जाल्यांत.

---

हॉकी

हॉकींत काल, नेदर्लंडसाच्या एम-स्टेलवीनांत जाल्ल्या, एफ.आय.एच हॉकी विश्वचषकांत गट डी मॅचींत, भारतान वेल्साक 3 आड 1 अशे हरयले. भारता खातीर कर्णधार हरमनप्रीत सिंगान दोन, जाल्यार संजय राणान एक गोल केलो. वेल्स खातीर सॅम वेल्स हाणें, एक गोल केलो.

---

क्रिकेट

दादल्यांच्या क्रिकेटांत आयज गाले आंतरराष्ट्रीय स्टेडियमार, पयले कसोटीच्या दुसऱ्या दिसा, श्रीलंके आड 2 बाद, 288 धांवड्यो काडून भारत आयज आपलो पयलो डाव, परतून सुरू करतलो. काल देवदत्त पाडिक्कल 131 धांवड्यो करून अपराजित उरलो, जाल्यार ऋषभ पंत हाणें 27 धांवड्यो काडल्यो. केएल राहुल 77 धांवड्यो करून, दुखापत जाल्ल्यान भायर सरलो. काल पावसाक लागून, खेळ 73 ओव्हरींमेरेन कमी केलो. ताचे आदीं, भारतान कुरुबावलो जिखून पयलीं फलंदाजी करपाचो पर्याय घेतलो.

---

हवामान

भारतीय हवामान खात्यान आयज अरुणाचल प्रदेश, ओडिशा, उत्तर प्रदेश आनी उत्तराखंडातल्या काय सुवातींनी, घोग्यांनी पावस पडपाचो अदमास उक्तायला. तशेंच ईशान्य भारत, छत्तीसगड, गुजरात, हिमाचल प्रदेश, जम्मू-काश्मीर, कोकण आनी गोंय, मध्य महाराष्ट्र, मध्य प्रदेशांतल्या कांय वाठारांनी, मध्यम ते व्हड प्रमाणांत पावस पडपाची शक्यताय आसा. मजगती, उत्तर ओडिशांत हुंवाराक लागून जनजीण विस्कळीत जाल्या. न्हंयो धोक्याच्या रेषे वयर व्हांवतात, जाल्यार काय वाठारांनी हुंवाराची भिरांत वाडल्या. हवामान खात्यान, मयूर-भंज आनी बालासोरात रेड अलर्ट जारी केल्या. आनी स जिल्ह्यां खातीर orange अलर्ट जारी केला.

---------------------------------------------------------

आता खबरो सोपोवच्या आदी, परतुन एक फावट आयच्यो मुखेल खबरो

**- संसद आनी राज्य विधानसभांनी बायलांचें आरक्षण, चालीक लावपाक सगल्या पक्षांनी आदार दिवचो, असो उलो प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी मारला.**

**- वेगवेगळ्या भौशीक परिक्षे खातीर फुकट ऑनलायन प्रशिक्षण दिवपाची, प्रधानमंत्र्यांनी केली घोशणा. फुडल्या एका वर्सात, एक कोटी तरणाट्यांक, एआय कुशळटायेचें प्रशिक्षण दिवपाचें सरकारान थारायलां.**

**- ५० देशांचो प्रवास पुराय करून, खाशेली अशी सूर्यपथ तिरंगा संवसारीक रिले, काल san francisco हांगा सोंपली.**

**- उपराष्ट्रपती सी.पी. राधाकृष्णन आयज सावन, तमिळनाडूच्या दोन दिसांच्या भोंवडेर आसतले. ह्या भेटी वेळार शिक्षणीक, यादस्तीक आनी साहित्यीक कार्यावळींत वाटेकर जातले.**

**- हॉकींत काल, नेदर्लंडसाच्या एम-स्टेलवीनांत जाल्ल्या, एफ.आय.एच हॉकी विश्वचषकांत गट डी मॅचींत, भारतान वेल्साक 3 आड 1 अशे हरयले.**

---------------------------------------------------------